गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**तेल गळटी थांबोवपाच्या उपायांचेर मॉकड्रिल कवायत**

ता. 13 डिसेंबर 2019

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान आयज मिरामार दर्यादिगेर गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ आनी भारतीय तटरक्षक दळाच्या सहकार्यान तेल गळटीच्या प्रसंगार करपाच्या उपायांचेर मॉकड्रिल कवायत आयोजीत केल्ली. अर्द दिसाच्या मॉकड्रिल कवायतीत तेल गळटीच्या घडणूकां वेळार सुरक्षा यंत्रणांसयत मनीसबळाचो वापर, अर्थ मुव्हर्स, जेसीबी आनी हेर दर्यादिग नितळसाण मशीनरीचो वापर, एकटाय केल्ले तेल साठोवपाक खड्डे खणप, रेवमिस्त्रीत चिखलाचे वेवस्थापन आनी हेर उपायांचेर तटरक्षक दळाच्या अधिकाऱ्यांच्या मार्गदर्शनाखाला मॉकड्रिल कवायत जाली.

ही मॉकड्रिल कवायत आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेचो एक भाग जावन आसा आनी लोकांमदी आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणां आनी उपायांविशीं जागृताय करप हो कवायतीचो उद्देश आसा. उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका हांणी ही मॉकड्रिल कवायत आयोजीत करपा फाटलो उद्देश स्पश्ट केलो.

ह्या वेळार गोंय प्रदुशण नियंत्रण मंडळ, पर्यटन खाते, नुस्तेमारी खाते, पुलीस, दर्यादिग सुरक्षा, उजो पालोवपी दळ आनी पणजी महापालिकेचे अधिकारी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/857

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA